# कुश्ट रोगाची लक्षणां दिसल्यार भलायकी केंद्रांनी डॉक्टरांक मेळचे

ता. 30 नोव्हेंबर 2018
9 मार्गशीर्ष 1940

भलायकी सेवा संचालनालयावतीन राज्यात राष्ट्रीय कुश्ट रोग निर्मूलन कार्यक्रम राबोवपात येता. कुश्ट रोग हो उपचारांनी बरो जावपी रोग आनी कुश्टरोग बरो करपी एमडीटी वखदां सगळयां भलायकी केंद्रानी फुकट उपलब्ध आसात.

कुश्टरोगाची सुरवातीची लक्षणां म्हळयार हातां/पायांच्या कातीचेर डाग (पॅच) तयार जाता. ज्या भागाक संवेदना नासता, भेरेल्ले भशेन दिसता आनी मुयेता अशी लक्षणा दिसल्यार बेगोबेग लागीच्या भलायकी केंद्रात वचून दोतोराकडल्यान तपासणी करून घेवची.

कुश्टरोगाचेर वेळार आनी योग्य उपचार जाल्यार अपंगत्व टाळू येता. तशेंच कुश्टरोग दुयेंतीक समाजाकडल्यान आपलेपणाची वागणूक मेळपाची गरज आसा. कुश्टरोग दुयेंतीनी नेमान आनी पुराय वखदांचो कोर्स पूर्ण करपाक जाय. अशें केल्यान कुश्टरोगी पुराय बरो जावन सामान्य जीण जगपाक शकता.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1781